## गोंय विद्यापीठान संशोधन वांगडी पदांखातीर अर्ज मागयल्यात

ता. 17 एप्रिल 2025

गोंय विद्यापीठान विज्ञान आनी तंत्रज्ञान आनी कोयर वेवस्थापन संचालनालय, गोंय सरकार पुरस्कृत 'शाश्वत सेंद्रिय तांदूळ उत्पादना खातीर खाजन शेत जमनीचेर सायनोबॅक्टेरियल जैवखतांचो परिणाम' ह्या विशया वयल्या संशोधन प्रकल्पाचेर काम करपाक संशोधन वांगडी पदाच्या सुवाते खातीर पात्र उमेदवारां कडल्यान अर्ज मागयल्यात.

संशोधन वांगडी पदाखातीर वनस्पतीशास्त्रात एम.एससी पात्रताये सयत शेळो आनी वनस्पती संवर्धनाचे ज्ञान आसपाक जाय. प्रकल्पाचो कार्यकाळ तीन वर्सां आसून निवड जाल्ल्या उमेदवारांक म्हयन्याक 14,000/- रूपया शिश्यवृत्ती रक्कम दितले.

इत्सुक आनी पात्र उमेदवारांनी मुलाखती खातीर 30 एप्रिल 2025 दिसा सकाळी 10.00 वराचेर गोंय विद्यापीठाच्या जीवशास्त्र शाखा, जैविक विज्ञान आनी जैवतंत्रज्ञान विभागात हजर रावचे.

उमेदवारांनी आवश्यक दाखल्यां सयत मुखेल संशोधक डॉ. रूपाली भंडारी, जीवशास्त्र शाखा, जैविक विज्ञान आनी जैवतंत्रज्ञान विभाग, गोंय विद्यापिठ, ताळगांव पठार, गोंय 403206 हांका अर्ज बरोवचो. उमेदवारांनी मुलाखतीक येतना मुळ दाखले वांगडा हाडचें.

म्हा /सप/ / विगां/ 2025/365

--

---

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,
Government of Goa,
Udyog Bhavan, Third Floor,
Near Azad Maidan,
Panaji – Goa.